Panaji

National News

25 dec 2025.6.30pm

## प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी

फाटल्या 11 वर्सां सावन आपलें सरकार समाजांतल्या दरेका नागरिकाच्या बरे खातीर कश्ट घेता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. तांणी फुडें सांगलें की आपलें सरकार तांकां कसलोच भेदभाव करिनासतना येवजण्यांचे सगळे तरेचे फायदे दिता जें खरो शासन आनी खरो धर्मनिरपेक्षता.आदले प्रधानमंत्री भारत रत्न अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या 101व्या जयंती निमतान लखनौ हांगा भौशीक रॅलीक संबोधीत करताले. स्वतंत्र भारताच्या दिग्गजांच्या दायजाचो भोवमान करपा खातीर बांदिल्ल्या लखनौ हांगा राष्ट्र प्रेरणा स्थानाचें उक्तावण प्रधानमंत्री हांणी केलें.सरकारी येवजण्यांचें संतृप्ती हें आपल्या सरकाराचें बोधवाक्य आनी आतां कोट्यांनी गरीब नागरिकांक तांचो फायदो मेळटा अशें आपल्या भौशीक संबोधनांत प्रधानमंत्र्यान सांगलें.

## कॅथेड्रल चर्च

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज दिल्लीच्या कॅथेड्रल चर्च ऑफ द रिडेम्पशनांत नाताळाच्या सकाळींचे सेवेक हाजीर रावले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें, हे सेवेंत मोग, शांती आनी करुणेचो कालबाह्य संदेश दिसून येता. नाताळाची भावना समाजांत एकचार आनी सद्भावना निर्माण करतली अशी आस्त तांणी उक्तायली.

## संसाद खेल

संसाद खेल महोत्सवांतल्यान देशाक हजारांनी प्रतिभावान खेळगडे मेळटात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान संसाद खेळ महोत्सवाक संबोधीत करतना श्री मोदी हांणी सांगलें, संसाद खेळ महोत्सवाचें प्रमाण खूब वाडलां आनी ताचो परिणामूय खूब वाडला. तरणाट्यांच्या उदरगतींतल्यान राष्ट्रनिर्माणाच्या मंत्रान हो खेळां महोत्सव एक घटमूट खांबो जावपाक लागला अशें तांणी सांगलें. जिखप आनी हारपा परस ह्या खेळां वरवीं खेळगडे शिकतात ती खेळगडीपण आनी नितळ खेळपाची भावना सक्षम आनी

शिस्तबद्ध तरणाट्यांची उदरगत करपाक योगदान दिता अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. तांणी म्हणलें, हे सक्षम आनी शिस्तबद्ध तरणाटे राष्ट्राचो फुडार बांदतात.

## ग्राम सदक येवजण

भारताचो एक प्रभावी ग्रामीण मुळाव्या साधनसुविधा उपक्रमांतलो एक उपक्रम, प्रधानमंत्री ग्राम सदक येवजण (पीएमजीएसवाय) आयज ताची 25 वर्सां पुराय जाता. आदीं जोड नाशिल्ल्या गांवगिऱ्या रावपाच्या सुवातीं कडेन सगळया हवामानांत जोडणी सुनिश्चीत करपा खातीर 25 डिसेंबर 2000 दिसा सुरू जाल्ली ही कार्यावळ शेतकी वाड, रोजगार निर्मिती, शिक्षण आनी भलायकी सेवांचो सुदारप आनी गरिबी उणी करपाक एक मुखेल सक्षम करपी म्हणून उदेला.सुरवाती सावन पीएम ग्राम सदक येवजणे खाला 8 लाख 25 हजार किलोमीटरां वयर गांवगिऱ्या रस्त्यांक मंजुरी दिल्या, 7 लाखां परस चड 87 हजार किलोमीटर काम पुराय जाला. फाटल्या वर्सांनी येवजणेक अर्थसंकल्पीय वाटप केल्ल्यान ग्रामीण रस्त्यांची जोडणी घटमूट करपाचेर सरकारान टिकावू भर दिल्ल्याचें दिसून येता

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, राज्यसभेचे उपाध्यक्ष हरिवंश, राज्यसभेंतले सभाघराचे फुडारी जे पी नड्डा, हाजीर आशिल्ले केंद्रीय मंत्री किरेन रिजिजू, अर्जुन राम मेघवाल आनी डॉ जितेंद्र सिंग आनी आदले खासदारांनी आयज संसद परिसरांत आदले प्रधानमंत्री भारत रत्न अटल बिहारी वाजपेयी हांकां फुलांची श्रद्धांजली दिली. संविधान सदनांत अटल बिहारी वाजपेयीच्या चित्राचेर मानेस्तांनी श्रद्धांजली दिली.

## प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार’

राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू फाल्यां नवी दिल्लींत वीर बाल दिवसा निमतान ‘प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार’ दितले. बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान सांगलें की, ह्या वर्सा 18 राज्यांतल्यान आनी केंद्रीय प्रदेशांतल्या 20 भुरग्यांची ह्या सन्मानाची निवड जाल्या, तांणी धाडस, खेळ आनी समाजसेवे सयत वेगवेगळया मळार उत्कृश्ट कामगिरी दाखयल्या.वीर बाल दिवसाच्या राष्ट्रीय पांवड्यावेल्या कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भुरग्यांक आनी तरणाट्यांकय संबोधीत करतले अशी म्हायती मंत्रालयान दिल्या. नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळींत धाडस, लवचीकपण, आनी निस्वार्थ सेवा ह्यो काणयो उजवाडाक हाडटले अशें तातूंत म्हणलां. देशाचें

गिरेस्त संस्कृतीक दायज आनी शौर्याची भावना दाखोवपी सांस्कृतीक सादरीकरणांय ह्या कार्यावळींत जातली. केंद्रीय बायलां आनी बाल विकास मंत्री अन्नपूर्णा देवीय ह्या कार्यावळीक हाजीर रावतली.